प्रादेशिक खबरो        18.06.2025 @ 7.25 pm

रश्मि 180

गोंय क्रांती दिसाची पणजे आझाद मैदानाचेर शासकीय कार्यावळ जाली. हे वेळार उलयताना मुखेलमंत्र्यान म्हळे

क्रांति दिसाच्यो लोकांक परबी दितना विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाणी म्हणले

सुटके झुजाऱ्यांनी ज्या परजळीत गोंयचे सपन गोंय पळयिल्ले ते गोंय आता साकारला मुळाव्या सादन सुविदासयत, मानवी उदरगत, 100 टक्के साक्षरता, अर्थिक, सामाजिक रित्या विकसित गोंय राज्य आता साकारला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

40

विकसित भारत 2047 ची मोख दवरतना विकसित गोंय 2037 करपाखातीर आता परत एकदा गोंयकारांनी जात, कात, धर्म, राजकारण कडेक दवरुन स्वयंपुर्ण गोंय करपाखातीर मुखार येवचे, गोंयांक आाता डीजीटल आनी तंत्रगिन्यानाचो उपेग करुन सक्षम करपाच्या नदरेतल्यान काम करप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

45

गोंय क्रांती दिसा निमतान उलयतना गोंय मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या ज्ञात-अज्ञात स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपून कृशी मंत्री रवी नाईक हांणी गोंयांक परकीय राजवटीतल्यान मुक्त करपा खातीर राष्ट्रवादी फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी दिल्ल्या मोलादीक योगदानाचे स्मरण केले.

सुशांत /dip 180

गोंय क्रांती दीस हो शोर्य आनी त्यागाचे प्रतीक जावन आसा. गोंय मुक्ती चळवळीत स्वातंत्र्य सैनिकांनी पोर्तुगीज सत्तेआड धाडस आनी त्यागाच्या भावनेन लढो दिलो आनी तांणी केल्ले धाडस आनी त्यागाक लागून 19 डिसेंबर 1961

दिसा गोंय पोर्तुगीज राजवटीतल्यान मुक्त जालें, अशें .समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी उलयतना सांगलें.byte subhash 35

गोंय क्रांती दीस हो शोर्य आनी त्यागाचे प्रतीक जावन आसा. गोंय मुक्ती चळवळीत स्वातंत्र्य सैनिकांनी पोर्तुगीज सत्तेआड धाडस पोर्तुगीज सत्तेआड आवाज करून गोंयच्या लोकांमदी मुक्ती चळवळीची किट पेटोवपी राष्ट्रवादी फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या उगडासाक नमन करून आयच्या तरणाट्या पिळगेन स्वातंत्र्याचो आनंद घेता आसतनाच समाजप्रती आपले कर्तव्य लक्षात घेवन काम करपाचो उलो मारलो.

आमदार दिगंबर कामतउल्हास तुयेंकर, विरोधी पक्षफुडारी युरी आलेमांव, नगराध्यक्ष. दामोदर शिरोडकर, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीटस आयएएस, पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा आयपीएस, संशोधक. अभिषेक रंजन सिंग, स्वातंत्र्य सैनिक. वसंत नाईक, विद्यार्थ्यी आनी नागरिक कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

सुशांत 190

७९व्या गोंय क्रांती दिसा निमतान आयज गाेंयचे राज्यपाल श्रीधरन पिल्लाई हांणी आयज असोळणे हांगाच्या डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांच्या घराक भेट दिवन डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांका आर्गां ओंपली. ह्या दोनूय फुडाऱ्यांचो गोय मुक्ती चळवळीत व्हड वांटो आसा अशें मत तांणी उक्तायले.हयावेळार तांची घरकान्न, वेळ्ळीचे आमदार क्रूझ सिल्वा, इतिहास संशोधक संजीव सरदेसाय, राजेंद्र केरकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

20

उद्देगिक मळावेल्या भागधरकाकडे जाल्या एके चर्चेत गोयातल्या तरनाट्याक रोजगराच्यो सधी मेळचयो म्हण वेगवेगळ्या संस्थाकडे उलयला अशे मुखलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगला. Byte assn 30

रश्मि 80

जागतिक योग दिसाच्या फांटभुयेर गोंय सरकारान राज्यात 21 जुनाक योगाच्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी आयोजित केल्या अशी म्हायीत खेळा आणि युवा वेव्हार खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दिल्या.ताळगांवा श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेंर योग दिसाची मुखेल कार्यावळ जातली. योग दिसापुरतोच योग करचो न्ही तर देशाक घटमुट आनी सशक्त पिळगी मेळवपाखातीर योग हे एक बरे साधन आसा , ताका लागुन गोंयकारांनी ह्या योग दिसात वाटो घेवचो, आनी सदाच योग करचे अशे मंत्री गावडे हांणी म्हणला.byte gaude 45

राज्यांतली अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थची मुखेल कार्यावळ 'योग संगम' म्हापसाच्या पेडे खेळांसंकुलांत जातली तर पर्यटन खात्याचो आंतरराष्ट्रीय योग दीस 21 तारखेक पोरन्या गोंयां जातली राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हे कार्यावळीचे मुखेल सोयरे आसतले

गणेश 80

गोयातल्या कंपन्यानी गोयातल्या कंत्राटदारांची नेमणूक करची जेणे करून गोंयकाराक नोकऱ्यो मेळप शक्य जातले अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले. उद्देगाक गोंयकारांक नोकरेत प्राध्यान्य दिवपा सयत उण्यातउणे वेतन दीवचेच पडटले अशेय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी मंत्रालयात उद्येजक तशेच मजूर खात्याची बसका घेतली. हे बसकेक अधिकारी हाजीर आशिल्ले. बसके उपरांत मुखेलमंत्र्यांनी पत्रकार परिशदेत ही माहिती दिली. कुशळ कामगारांचो पगार वाडोवपाचो, कामगारा खातीर येरादारीची वेवस्था, कामगाराक प्रशिक्षण वर्ग आयोजित करप, गोयात काम करपी खासगी कामगाराची वळेरी तयार करप अशे निर्णय बसकेत जाले.

सुभाष 50

फोंडा तालुक्यांतल्या माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांनी २१ जून दिसा जावपी आंतरराष्ट्रीय योग दीसाची तयारी सुरू केल्या. योग दिसाक फकत ३ दीस उरिल्ल्यान तालुक्यातल्या विद्यार्थ्यांनी योग करपाक सुरवात केल्या, जाका लागून

सगळेकडेन उमेदीचें वातावरण निर्माण जालां. योग समिती आनी हेर नामनेच्या योग संस्थांच्या मार्गदर्शना खाला ह्या संकुलांत तालुका पातळेचेर योग कार्यावळ जातली.

रश्मि 60

गोंय पर्यटन खातें आनी शिवोलेच्या सांजांव पारंपारीक बोट महोत्सव & सांस्कृतीक संघटनेच्या जोडपालवन दरवर्सा प्रमाण अंदु लेगीत शिवोले सेंट अँथनी इगर्जेच्या सामकार साजांव 2025चे आयोजन केला . मुखेल सोयरे म्हण पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हाजीर रावतले. हे शिवाय शिवोलची आमदार डीलायला लोबो, कळंगुटचो आमदार मायकल लोबो, गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गणेश गांवकार, पर्यटन कात्याचे सचिव संजीव अहुजा तशएचं हेर मानेस्त सांजावाक हाजेरी लायतले.

स्पोर्ट्स 20

21 तारखे सावन जर्मनींत जावपी प्रतिश्ठीत 4 नेशन्स चॅम्पियनशिपांत वांटो घेवपा खातीर कर्णधार अरजीत सिंग हुंडल हाच्या फुडारपणा खाला भारतीय कनिश्ट दादल्यांचो हॉकी पंगड आयज भायर सरलो.

तापमान 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण कमाल तापमान 31.5डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला राज्यात फाटल्या 24 वरात पावसाची नोंद 14 मिलीमीटर जाल्या आणि खुपशा सुव्यतिनि नेटाचो पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उकतायला